राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  १२.०१.२०२६ @ ८.४० am

आज राष्ट्रीय युवा दिस त्या निमतान प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी  राष्ट्रीय विकसित भारत युवा फुडारयांच्या संवादात तरणाट्यांकडे संवाद साधतले

जर्मन चांसलर फ्रेडरिक मेर्झ आज सावन भारताच्या पयल्या अधिकृत दौऱ्याक सुरुवात करतले

केंद्रीय युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्री डॉ. मांडविया हांणी VBYLD 2026 त वेचलेल्या सहभागींचे अभिनंदन केला.

भारत आनी न्युझीलंड पंगडामदल्या तीन एका दिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळामाळेत काल राती वडोदरात जाल्ल्या पयल्या खेळात भारतान न्यूझीलंडाक चार गड्यांनी हारयले

Pm 160

आज राष्ट्रीय युवा दिस त्या निमतान प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी  राष्ट्रीय विकसित भारत युवा फुडारयांच्या संवादात तरणाट्यांकडे संवाद साधतले दरवर्सा १२ जानेवारी क महान आध्यात्मिक फुडारी आणि तत्वज्ञानी स्वामी विवेकानंद यांच्या जयंतीनिमीत्त हो दिस मनयतात.  त्यांचे प्रेरणादायी जीवन आणि सशक्तीकरण संदेश तरणांट्यांक त्यांच्या स्वप्नांचो फाट पुरावो करपाक, त्यांच्या आंतरिक शक्तीचो वापर करपाक आणि त्यांच्या आदर्शांनी मार्गदर्शन केल्लो फुडार घडोवपाक प्रेरित करता. या वेळार, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी नवी दिल्लीत विकसित भारत युवा फुडारी संवाद २०२६ च्या समारोप सत्रात सहभागी जातले ते देशभरातल्या सुमार तीन हजार तरणाट्यांकडे, आंतरराष्ट्रीय डायस्पोराचे प्रतिनिधित्व करपी तरुण प्रतिनिधींकडे संवाद साधतले. वेचलेले सहभागी प्रधान मंत्र्यांक त्यांचे अंतिम सादरीकरण दितले. राष्ट्रीय महत्त्वाच्या प्रमुख क्षेत्रांर युवा-नेतृत्वाखाला दृष्टिकोन आणि कृतीशील कल्पना सामायिक करतले

विकसित भारत युवा फुडार्यांचो संवाद शुक्रा सुरू जालो आणि आज सोपतलो. हातुंत देशभरात वेगवेगळ्या स्तरांर ५० लाखां परस अधिक तरणांट्यांचो सहभाग दिसून आयला. राष्ट्रीय स्तरावेल्या स्पर्धेत सहभागी जावपी युवा फुडार्यांची निवड कठोर, गुणवत्तेर आधारित तीन-टप्प्यांच्या निवड प्रक्रिये वरवी केल्या, ज्यातुन देशव्यापी डिजिटल क्विझ, निबंध आव्हान आणि राज्यस्तरीय व्हिजन प्रेझेंटेशन आसपावता.

मेर्झ 140

जर्मन चांसलर फ्रेडरिक मेर्झ आज सावन भारताच्या पयल्या अधिकृत दौऱ्याक सुरुवात करतले. चांसलर मेर्झ हांचो हो पयलो अधिकृत भारत दौरा आसा. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीआज अहमदाबादात जर्मन चांसलरांचे स्वागत करतले. फाटल्या वर्सा २५ वरसा पुराय जाल्या भारत-जर्मनी धोरणात्मक भागीदारीच्या वेगवेगळ्या पैलूंम दी जाल्या प्रगतीचो आढावो दोनुय फुडारी घेतले. परराष्ट्र मंत्रालयान सांगला की, चर्चा व्यापार आणि गुंतवणूक, तंत्रज्ञान, शिक्षण, कुशळताय आणि गतिशीलता या क्षेत्रात सहकार्य अधिक तीव्र करपाचेरय लक्ष केंद्रित आसतले. संरक्षण आणि सुरक्षा, विज्ञान, नवोन्मेष आणि संशोधन, हरित आणि शाश्वत विकास आणि लोक-ते-लोक संबंध या महत्त्वाच्या क्षेत्रात सहकार्य वाडोवपाचेरय चर्चा जातली. प्रधान मंत्री मोदी आणि चांसलर मेर्झ व्यवसाय आणि उद्योग पुडर्यांकडेय संवाद साधतले आणि प्रादेशिक आणि जागतिक महत्त्वाच्या मुद्द्यांर विचारांची देवाणघेवाण करतले. जर्मन चांसलर साबरमती आश्रम आणि अदलाज स्टेपवेलाकय भेट दितले आणि पतंग महोत्सवात सहभागी जातले. मेर्झ बेंगळुरू कुय भेट दितले थंय, ते बॉश कॅम्पस आणि सेंटर फॉर नॅनो सायन्स अँड इंजिनिअरिंराक भेट दितले

guj 80

कच्छ आनी सौराष्ट्र प्रदेशा खातीर दोन दिसांच्या वाइब्रंट गुजरात प्रादेशिक परिशदेचें उक्तावण काल राजकोटांतल्या मारवाडी विद्यापिठांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केलें. सौराष्ट्र आनी कच्छ ह्या अस्तंतेकडल्या बारा जिल्ह्यांनी

गुंतवणूक, नवनिर्मानाक चालना दिवपाचो ह्या  परिशदेचो हेत आसा. ह्या निमतान प्रधानमंत्र्यानी  सौराष्ट्राच्या सात जिल्ह्यांनी 13 नवे ग्रीनफील्ड स्मार्ट उद्देगीक इस्टेटी सुरू केले आनी राजकोटांत खाशेल्या वैजकी उपकरण पार्कांचें उक्तावण केलें. मोदी हांणी  वाइब्रंट गुजरात शिखर परिशद संवसारीक वाड, आंतरराष्ट्रीय सहकार, आनी भागीदारी खातीर एक घटमूट माची जाळ्या अशे सांगलें .

Pm 70

गुजरात भोंवडेच्या दुसऱ्या दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी इतिहासीक सोमनाथ स्वाभिमान पर्वचो एक भाग म्हूण आयोजीत केल्ल्या प्रभास पाटनांत भव्य ‘शौर्य यात्रे’चें फुडारपण केलें.  सोमनाथ देवळाची राखण करतना आपलो जीव ओपिल्ल्या  असंख्य झुजाऱ्यांक प्रधानमंत्र्यांनी  हांणी श्रद्धांजली ओपली. सोमनाथ स्वाभिमान पर्व हें शाश्वत श्रद्धेचें आनी भक्तीचें जिवंत प्रतिबिंब अशें वर्णन करतना तांणी  हो उत्सव फकत इतिहासीक वैभवाची परब न्हय, तर सोमनाथ देवळाचो कालबाह्य प्रवास फुडल्या पिळग्यां खातीर दवरपाची एक म्हत्वाची संद आसा .

मांडविया 120

केंद्रीय युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्री डॉ. मांडविया हांणी VBYLD 2026 त वेचलेल्या सहभागींचे अभिनंदन केले  मांडविया यांनी आज देशभरातल्या सुमार 50 लाख तरणाट्यां मधल्यान विकसित भारत यंग लीडर्स डायलॉग (VBYLD) 2026 खातीर निवड जाल्याबद्दल तरुण सहभागींचे अभिनंदन केले. कार्यक्रमाच्या तिसऱ्या दिसा मेळाव्यात उलयताना ताणी म्हणले की संवादा वरवी तरणाटे थेट भारत सरकाराकडे जोडले  आणि रोखडेच प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी मुखार त्यांचे विचार मांडतले.  संवाद हो कार्यक्रमाचा शेवट न्हय तर विकसित भारताचे स्वप्न प्रत्यक्षात हाडपाच्या प्रवासाची सुरुवात आसा हाचेर ताणी  यभर दिलो. डॉ. मांडविया यांनी अशेय अधोरेखित केले की विकसित भारत करपाक

नशा मुक्त युवा आवश्यक आसात आणि पदार्थांचे गैरवापर हे एक गंभीर आव्हान असल्याचे वर्णन केले.

नितीन 80

भाजपचे राष्ट्रीय कार्याध्यक्ष नितीन नबीन यांनी तामिळनाडूतल्या कोइम्बतूर हांगा नीलंबूराक भेट दिली आणि विकसित भारत जी राम जी योजनेच्या लाभार्थ्यांकडे संवाद साधलो. या संवादात १५० परस चड  लाभार्थ्यांनी भाग घेतलो. या मेळाव्यात उलयताना  नबीन हाणी म्हणाले की विकसित भारत जी राम जी योजनेचा फायदो तळागाळातल्या लोकांक जातलो . त्यांनी सांगले की विकास योजना जलद गतीन राबयतात आणि कसलेच मध्यस्थ ना, ज्या का लागुन लाभ थेट सामान्य मनशा मेरेन पावतलो. त्यांनी आरोप केलो की राज्य सरकार भ्रष्टाचारात गुंतला आणि त्यांका परत वेचुन दिवचे न्हय.

पुरी 100

काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या 'विकसीत भारत तरणाटे फुडारी संवाद 2026' हातूंत वांटो घेवपी पंजाबाच्या प्रतिनिधीं कडेन केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप हांणी संवाद सादलो.युवाशक्ती ही बदलाची  वाहक आनी बदलाची सगळ्यांत व्हड लावार्थी अशें पुरी हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हणलां. पंजाबांतल्या वेगवेगळ्या म्हाविद्यालयांतल्यान आयिल्ल्या तरणाट्यांनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची 'विकसीत भारत' ही नदर घटमूट करपा खातीर आपले अणभव, विचार आनी आकांक्षा उमेदीन उत्साहान मांडल्यो  अशें तांणी सांगलें. भारताच्या उर्जा क्षेत्रांतल्या वेगवेगळ्या तासा विशीं, जातून इंधनाची शाश्वतता आनी परवडपी  किंमत, तशेंच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला सुरू केल्ल्या वेगवेगळ्या दूरदृष्टीच्या कल्याणकारी येवजण्यांचेर आपूण आनी सहभागीांनी सविस्तर चर्चा केली अशें पुरी हांणी सांगलें.

Mandviya 50

केंद्रीय युवा वेव्हार मंत्री आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या फिट इंडिया संडेज ऑन सायकलाचे 56वे आवृत्तींत वांटो घेतलो. भारतीय टेनिस स्टार लीअंडर पेस आनी आख्यायिका बॅडमिंटनपटू गोपीचंद हांणी हे सर्तींत वांटो घेतिल्लो

वैष्णव 90

केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव आयज अमेरिकेंतल्या वॉशिंग्टन डी.सी. जी 7 क्रिटिकल मिनरल्स मंत्रिस्तरीय बसकेत वाटो घेतले. हि बसका ही सामरिक संसाधनां खातीर जागतीक पुरवण साखळी सुरक्षीत करपाच्या हेतान आयोजीत केल्ली म्हत्वाची बसका. विकसीत भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर क्रिटिकल मिनरल्स खातीर सुरक्षीत पुरवण साखळी गरजेची अशें अश्विनी वैष्णव हानी  सोशल मिडियाचेर पोस्टांत म्हणलां. अमेरिकेचे ट्रेझरी सेक्रेटरी स्कॉट बेसेंट हाच्या हालींच्या काळांत दिल्या संकेतां दिले आणि संगील्ले कि ऑस्ट्रेलिया आनी भारता सयत हेर जायते देश वॉशिंग्टनांत जावपी जी-7 अर्थमंत्री बसकेंत चर्चा करपा खातीर सहभागी जातले ह्या फाटभुयेर  वैष्णव हांनि वांटो घेतला.

प्रगती 90

सक्रिय प्रशासन आनी वेळार अंमलबजावणी करपा खातीर प्रधानमंत्र्याची  मुखेल माची  प्रगती न  आपल्या 50व्या  बसकेचे यशस्वी आयोजीत करून म्हत्वाचो मार्गदर्शक फातर साध्य केला. 2015 वर्सा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सुरू केल्या उपरांत प्रगतीन  थेट प्रधानमंत्र्याच्या नियाळा वरवीं मुखेल मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचेर आनी भौशीक कागाळींचेर रियल टाईम निरिक्षण आनी निराकरण सक्षम करून प्रशासनांत बदल केला. केंद्र, राज्यां आनी केंद्रीय मंत्रालयांक एकाच डिजिटल संवादाचेर एकठांय हाडपी हो प्लॅटफॉर्म सहकारी संघराज्याचें एक उत्तम उदाहरण आसा. एक दसका भितर प्रगतीन निर्णयप्रक्रियेक

गती दिवपाक, मुखेल मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांक कळाव लागपी प्रस्न सोडोवपाक आनी जापसालदारकेची घटमूट संस्कृताय रुजोव्पाक मदत केल्या.

क्रिकेट - ९०

भारत आनी न्युझीलंड पंगडामदल्या तीन एका दिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळामाळेत काल राती वडोदरात जाल्ल्या पयल्या खेळात भारतान न्यूझीलंडाक चार गड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना न्यूझीलंड पंगडान निर्धारित ५० षटकांत आठ बाद ३०० धावंड्यो केल्ल्यो. डॅरिल मिशेलान सगळ्यात चड ८४ धावंड्यो केल्यो, तर हेन्री निकोल्सन हांणे ६२ धावंड्यांचे योगदान दिले

Imd 20

भारतीय हवामान खात्यान राजस्थान, दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, ओडिशा आनी पंजाब ह्या वाठारांनी थंड ल्हारांचा परिस्तिथीचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्या प्रमाण बिहारातय थंड ळारांची परिस्तिथी येवपाची शक्यताय आसा.